Panaji Regional 15th February 2026 7.25am

गोंय कार्नावल महोत्सवाची सुरुवात काल राजधानी पणजीतल्यान जाली. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी बावटो दाखोवन तशेंच बोमाडे हुबोवन कार्नावल महोत्सवाच्या मिरवणुकीचे उक्तावण केले. खायात, पियात आनी मजा करात असो संदेश अंदुचो किंग मोमो सेट्रीक डीकोस्टान  दिलो. उपरांत मिरवणुकीची सुरुवात जाली.  उक्तावण सुवाळ्यावेळार  पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे तशेंच राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, साळगावंचे आमदार केदार नायक,पणजी म्हापालिकेचे मेयर रोहित मोन्सेरात तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. पणजे कार्नावल पळोवपाक गोंयकारांसयत, देशी तशेचं विदेशी पर्यटकांनी गर्दी केल्ली. ह्यावेळार गोंयची गिरेस्त संस्कृताय दाखोवपी चित्ररथ, तशेच गोयच्या कोकणी भाशेतल्या गीतांचेर नाच, परेड डान्स, फेन्सी ड्रेसाच्या वेगवेगळया पांत्रांनी लोकांची मनरिजवण केली.गोंय  हे  नामनेचे पर्यटन थंळ म्हण ओळख दवरपाक कार्नावाल महोत्सव महत्वाची भुमिका साकारता, गोंयचो कार्नावाल महोत्सव जवाबदारीन आनी उमेदिन मनयात अशे ह्यावेळार उलयताना मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी सांगले.  १९६५ वर्साससावंन गोंयांत  सुरु जाल्लो कार्नावल  महोत्सव वर्सान वर्स व्हडलो जायत आसा अशे ह्यावेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी सांगले.

-----------------------------------------------

मडगाव हांगाच्या समाज सेवा संघाचे अध्यक्ष आनी उद्देजक सुदीन नायक हांणी काल कृत्रिम बुद्धी (एआय) आनी तंत्रगिन्यान शिक्षण पद्दत आशिल्ल्या शाळांक सरकारान खाशेली अनुदान दिवची अशी मागणी केली.काल या शाळेतल्या एआय केंद्राच्या विद्याथ्र्यांनी तयार केल्ले रोबोट्स आणि हेर आविष्कारांचे प्रदर्शन आशिल्ले त्यावेळार या संघाचे अध्यक्ष सुदिन नायक हाणी ही मागणी केली. ह्या प्रदर्शनाचे उक्तावण भौषिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हाणी केले. अनुदानाचे मागणेक जाप दितना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे कडेन हेवीशी चर्चा करून येता त्या अदमासपत्रकात ते विशी तजवीज करू येता काय ना हाचेर निर्णय घेवपाचे उतर दिले. विकसीत भारताच्या प्रवासांत तंत्रगिन्यानाची भुमिका

म्हत्वाची आसा. आतां मुळाव्या शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांक लेगीत प्रयोगशाळेंत वचूंक मेळटा हो बदल खूब येवकार दिवपा सारको आसा अशें कामत हाणी ह्यावेळार सांगले.

---------------------------------------------

राज्यांत महात्मा गांधी रोजगार गॅरंटी मिशन,मनरेगा खाला फाटल्या 6 वर्सांत 145 रस्ते पुराय जाल्यांत. 136 रस्त्यांचें काम अजून सुरू आसा, अशीं म्हायती ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान दिल्या. आदिवासी वाठारांनी ही कामां हातांत घेवपा खातीर खूबशी आव्हाना आयलीं. ताका लागून ही कामां पुराय करपाक कळाव जाता. हातूंत दोंगराळ वाठार आनी कठीण भौगोलिक परिस्थिती, रान खात्याचो दाखलो, थळाव्या पांवड्यार बांदकाम साहित्याची मर्यादित उपलब्धताय आनी थळावे कायदो-सुव्यवस्थे ह्या आव्हानांचो आस्पाव आसा.
वर्स 2020-21 ते 2025-26 ह्या काळांत 146 रस्ते प्रकल्प गावगिऱ्या वाठारांनी पुराय जाल्यात. सगळ्यांत चड 69 रस्ते प्रकल्प वर्स 2024-25त पुराय जाल्यात.

---------------------------------------------

Kerala – 45
केरळ राज्यातल्या त्रिवेंड्रम नगरपालिकेचेर भारतीय जनता पार्टीचे ४५ वर्सांनी कमळ फुल्ले. ही वेचणुक ९ डिसेंबर २०२५ वर्सा जाल्ली. वेचून आयिल्लया केरळच्या नगरसेवकांनी काल पणजे भाजप कार्यालयाक भेट दिली. ह्यावेळार गोय प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक तशेच मंत्री विश्वजीत राणे पणजी म्हापालिकेचे मेयर रोहित मोन्सेरात हांची भेट घेतली.

---------------------------------------------

देशभरासयत गोयातूय आज शिवरात्र परब व्हडा भक्तीभावान आनी उर्बे उमेदीन मनयतात. गोयातल्या साबार भगवान शंकर तशेच हेर देवळांनी शिवरात्र भक्तीभावान आनी उर्बे उमेदीन मनयतात.

---------------------------------------------

शेनवारा पणजेत चडांत चड तापमान 34.9 अंश आनी उण्यांत उणें 19.8 आशिल्लें जाल्यार मुरगांवां चडांत चड तापमान 34.6 अंश आनी उण्यांत उणें 20.2 अंश आशिल्लें. फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 34 ते 35 अंश आनी उण्यांत

उणें तापमान 21 ते 22 अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

-----------------------------------------------

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत आयज आर प्रेमदासा स्टेडियमाचेर भारत पाकिस्ताना आड खेळटलो. भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 7 वरांचेर खेळ सुरू जावपाचो आसा.

-----------------------------------------------